*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**शिकाऊ उमेदवार प्रशिक्षण कार्यक्रम**

ता. 26 नोव्हेंबर 2019

कुशळताय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान तालुका, जिल्हा आनी राज्य पातळीचेर वेगवेगळ्या जाग्यांचेर शिकाऊ उमेदवार प्रशिक्षण कार्यक्रमांचे आयोजन केला. तालुका पातळीचेर ता. 27 नोव्हेंबर 2019 दिसा म्हापसा, 29 नोव्हेंबर दिसा दिवचल, 5 डिसेंबर दिसा पेडणे, 7 डिसेंबर दिसा वास्को, 10 डिसेंबर दिसा काणकोण आनी 17 डिसेंबर दिसा फोंडा हांगा, जिल्हा पातळीचेर ता. 11 डिसेंबर दिसा मडगांव आनी ता. 13 डिसेंबर दिसा काकोडा, सावर्डे, सांगे आनी धारबांदोडा हांगा आनी राज्य पातळीचेर ता. 10 जानेवारी 2020 दिसा पणजे प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

कुशळताय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालया वतीन प्रधानमंत्री कौशल्य विकास योजना आनी खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी वेगवेगळ्या येवजणांचेर जागृताय कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता. तशेंच अर्ध्यार शाळा सोडप्यांखातीर अल्प मुजत अभ्यासक्रम फुकट आयोजीत करपात येता.

बेरोजगार युवकांनी वेगवेगळ्या येवजणांची म्हायती जाणून घेवपा खातीर ह्या कार्यक्रमांक हजर रावचे. तशेंच प्रधानमंत्री कौशल्य विकास योजनेखाला ट्रेनिंग पार्टनर म्हुण नोंदणी करपाक इत्सुक आशिल्ल्या संस्थांनीय ह्या कार्यक्रमांक हजर रावचे. वेगवेगळ्यो येवजणो आनी जागृताय कार्यक्रमांविशीं चड म्हायती खातीर 0832-2437059 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो वा www.sdct.goa.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/801

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA